Akashwani Panaji Regional news 7.25 am 1st March 2026

138 RASHMI

पेडणेचे आमदार प्रविण आर्लेकार हांणी पेडणेच्या रेंदरांक माड पाडपाखातीर  माडार चडपाक लागपी मशिन दिले. रेंदेर आपल्या जीवाक धोको पत्कारून माड पाडपाचे काम करता, तांचे काम ह्या अत्याधुनिक मशिनाच्य उपेगात सोपे करपाच्य हेतान आपणी ही मशिना वाटल्यात अशी म्हायती ह्यावेळार आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी दिल्या. शेतकी खात्यान रेदेंराखातीर विमो येवजण चालीक लायल्या. रेदेंराचे काम करपी नागरीकांनी ह्या येवजणेचो लाव घेवचो अशे आवाहन तांणी केला. हे शिवाय रेदेराच्य भुरग्यांनी बरे उच्च शिक्षित जांवन आपल्या आवय बापायचे नांव वयर काडचे अशे आर्लेकार हंणी म्हणला.

Rashmi

सुरश्री केसरबाई केरकारान भारतीय शास्त्रीय संगीतांत अतुलनीय प्रभुत्व आनी आजीवन योगदान दिवन गोंयचे नाव वयर काडले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.ते शेनवारा 42व्या सुरश्री केसरबाई केरकार संगीत समारोहाचें उक्तावण केल्या उपरांत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.ह्यावेळार कला अकादेमीचे अध्यक्ष चंद्रकांत कवळेकार आनी हेर मानेस्तांच्या हाजीर आशील्ले.ही कार्यावळ कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात जाली.समारोहाच्या औपचारीक उक्तावणा उपरांत गोंयचे पल्लवी पाटील हांणी शास्त्रीय गायन सादर केले.तशेंच मुंबयचो भाग्येश मराठे गायन हांचे गायन जाले,आयज ह्या कार्यावळीचो दुसरो दीस.समारोहाच्या दुसऱ्या दीसा सकाळी 10:30 वराचेर गोंयची नामनेची गायीका शकुंतला भरणे हांच्या गायनाची कार्यावळ जातली. जाल्यार छत्तीसगडांतल्यान आर्या नांदे ओडिसी नाच सादर करतली.1 मार्चाक सांजवेळा 4.30 वरांचेर

किशोर तेली आनी बुड्डेश तालकर हांचे मदली जुगलबंदी पळोवपाची संद मेळटली. सांजवेळा 5.45 वरांचेर दिल्लींतल्यान मीता पंडित शास्त्रीय गायन सादर करतली. सांजवेळा 7.30 वरांचेर मुळचे रघुनंदन पणशीकार हांची गायनाची कार्यावळ जातली.

RASHMI

सध्या कला अकादमीत सुरु आशिल्लया वेगेवगळ्या कोर्सावरवी शिक्षण घेतात अशें कवळेकार हांणी मेळाव्यांक मार्गदर्शन करतना सांगलें. तशेंच आदीं बंद केल्ले उपक्रम परतून सुरू करतले अशी कला अकादमीचे अध्यक्ष म्हण चंद्रकांत कवळेकार हांणी दिल्या.आयज कला अकादेमीच्या स्थापणूक दीस ाची कार्यावळ जाली. त्यावेळार कला अकादमीचे अध्यक्ष म्हण चंद्रकांत कवळेकार मुखेल सोयरे हय नात्यान उलयताले.

150 GANESH

मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या दोना पावलच्या घराचेर मोर्चो व्हेल्ल्या प्रकरणांत पणजी पुलिसांनी विरोधी फुडारी युरी आलेमांव, आमदार कार्लोस फेरेरा, वेन्झी व्हिएगस, क्रूझ सिल्वा, आरजीपी अध्यक्ष मनोज परब हांचे सयत 1200 ते 1500 लोकां आड एफआयआर दाखल केला. हातूंत बेकायदेशीर आंदोलन करप, मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या घराचेर चलून वचप, रस्तो आडावप अशीं कारणां दिल्यांत.फाटल्या शेनवारा आमदार विरेश बोरकार हांणी सांत आंद्रे मतदारसंघांत कलम 39 अ खाला प्रस्तावीत झोन बदल रद्द करपाची मागणी केल्ली. तांणी पाळे शिरदोनच्या थळाव्यां वांगडा खात्याच्या पाटो वयल्या कार्यालयांत थंयच बसून आंदोलन केलें.

110 KRISHI

गोंय सरकाराच्या कृशी संचालनालयान आयतार 1 मार्च 2026 दिसा नारायणदेव देवस्थान, सुर्ला हांगा कृशी मेळावो आनी शेतकार गौरव सुवाळो आयोजीत केला. सकाळी 10.00 वराचेर सुरू जावपी कृशी मेळाव्याच्या कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले.

IMD

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३३.2 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २0.2 औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

SPORTS

साखळीच्या इगल स्पोर्ट्स क्लबान आयोजित केलल्या इगल प्रेमिएर लीग ट२० LEATHERBALL क्रिकेट सर्तींत आरव 11 अनि सुरला सुपर किंग्स पांगड जैतीवंत जाले.